**युनिफाइड बीच क्रिकेट सर्तीन पर्पल फेस्ट 2023 च्या कार्यक्रमाक सुरूवात**

ता. 3 जानेवारी 2023

6 जानेवारी सावन सुरू जावपी पर्पल फेस्टची पूर्वतयारी म्हूण विशेश ऑलिम्पिक भारत आयोजीत युनिफाइड बीच क्रिकेट सर्तीचें आयज मिरामार बीचार उक्तावण जाले. समाजकल्याण मंत्री श्री सुभाष फळदेसाय हांणी साळगांव मतदारसंघाचे आमदार श्री केदार नाईक, गोंय राज्याचे दिव्यांग आयुक्त श्री गुरुप्रसाद पावसकर, महापौर श्री रोहित मोन्सेरात हांच्या उपस्थितीत सर्तीचें उक्तावण केले. ह्या वेळार मंत्र्याहस्तुकीं व्हील चेअर सुलभ ई-रिक्षा सेवेचोय शुभारंभ जालो.

राज्य दिव्यांग व्यक्ती आयोगाचे सचीव श्री ताहा हजिक, समाज कल्याण संचालनालयाच्यो संचालक श्रीमती संध्या कामत आनी विशेश ऑलिम्पिक भारत राष्ट्रीय खेळां संचालक श्री व्हिक्टर आर. वाझ आनी हेर मानेस्तय ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयताना समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी दिव्यांग व्यक्तींक शिक्षण, खेळ, करमणूक आनी हेर मळार प्रोत्साहन दिवपा वांगडाच तांकां आवश्यक साधनसुविधा उपलब्ध करून दिवपाची गरज आशिल्ल्याचे सांगून युनिफाइड बीच क्रिकेट सर्तीचें आयोजन केल्ले खातीर आयोजकांचे अभिनंदन केले.

आमदार श्री केदार नाईक हांणी दिव्यांग व्यक्तिंच्या कल्याणाखातीर कल्याणकारी उपक्रम राबोवन दिव्यांग व्यक्तिंक मदत करपाची गरज आशिल्ल्याचें सांगलें.

दिव्यांग आयुक्त श्री गुरुप्रसाद पावसकर, राज्य दिव्यांग आयोगाचे सचीव श्री ताहा हझिक हांचेय ह्या वेळार भाशण जालें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/10

Issued by

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,